Panaji National 25th September 2025 6.30pm

संवसारीक व्यत्यय आनी अनिश्चितताय आसून लेगीत भारताची वाड उल्लेखनीय आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. प्रधानमंत्र्यांनी आयज सकाळीं ग्रेटर नोयडात उत्तर प्रदेश आंतरराष्ट्रीय वेपार प्रदर्शनाचें उक्तावण केले, त्या वेळार ते उलयताले.  व्यत्यय देशाक विचलित करिना, पूण त्या परिस्थिती भितर ताका नवी दिका आनी नवी संद मेळटा अशे, मोदी हांणी सांगलें. भारतान आत्मनिर्भर जावंक जाय, अशे तांणी म्हळें. सरकार मेक इन इंडियाचेर लक्ष केंद्रीत करता आनी देशांत  चिप ते शिप तयार करपाचो हेतू आसा अशे तांणी मुखार म्हळें.

आयज सुमार 25 लाख विक्रेते आनी सेवा पुरवणदार सरकारी ई-मार्केटप्लेस जेम पोर्टला वरवीं सरकाराक पुरवण करतात अशें मोदी हांणी सांगलें.

2,200 वयर प्रदर्शक आपलीं उत्पादनां आनी सेवाचे प्रदर्शन करता ह्याखातीर प्रधानमंत्र्यानि खोस  उक्तायली. अंदूच्या उत्तर प्रदेश आंतरराष्ट्रीय वेपार प्रदर्शना खातीर रशिया भागीदार देश आसा अशें तांणी म्हळें. byte

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज नवी दिल्लींत लश्करी मुख्यालयांत 'स्वच्छता ही सेवा' मोहिमे खाला नितळसाण कामगारांचो भोवमान केलो. ह्या वेळार उलयतना सिंग हांणी सांगलें, 'स्वच्छ भारत अभियान' ज्या पद्धतीन क्रांतीच्या रूपात देशांतल्या दरेका मनशा मेरेन पावपाची पद्दत अजापीत करपी आसा.

ह्या वेळार प्रमुख रक्षा अध्यक्ष जनरल अनिल चौहान, लश्कर मुखेल जनरल उपेंद्र द्विवेदी आनी हवाई दल प्रमुख एअर चीफ मार्शल एपी सिंग हेउय हजर आशिल्ले.
केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री आनी भाजपाचे अध्यक्ष जे.पी.नड्डा हांणी नवी दिल्लींत स्वच्छता ही सेवा 2025 मोहिमेत वांटो घेतलो.

-------------------------------------------

भारतान अपेक्षा परस स वर्सां आदीं 20 टक्के जैव इंधन मिश्रण करपाचें ध्येय साध्य केलां, अशे पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी आयज सांगलें. ते नवी दिल्लींत जाल्ल्या संवसारीक हायड्रोजन भारत शिखर सभेंत उलयताले. ग्रीन हायड्रोजन हे फुडाराचें इंधन अशें सिंग हांणी सांगलें.

भारतीय जनता पक्षान आयच्यान देशभरांत आत्मनिर्भर भारत आनी हर घर स्वदेशी मोहीम सुरू केल्या.ही मोहीम आदले प्रधानमंत्री अटल बिहारी वाजपेयी हांची जयंती 25 डिसेंबर 2025 मेरेन चालू उरतली अशें नवी दिल्लींत जाल्ले पत्रकार परिशदेंत पक्षाचे सरचिटणीस अरुण सिंग हाणी जाहीर केलें. ह्या ९० दिसांच्या प्रचारांत भाजपा आनी ताचे कार्यकर्ते देशभरांतल्या लोकां कडेन संपर्क करतले आनी तांकां देशी उत्पादनांक आदार दिवपाक आनी विकतें घेवपाक प्रोत्साहन दितले अशें सिंग हांणी सांगलें.

हवामान खात्यान आयज तेलंगणा आनी विदर्भांत उटनगराचो पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच अंदमान आनी निकोबार जुंवे, आंध्र प्रदेशाचो दर्यादेगेवेलो वाठार, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय, लक्षद्वीप, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा ह्या वाठारांनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास खात्यान उक्तायला.

२१ सप्टेंबराक आशिया कपच्या सुपर फोर मॅची वेळार जालल्या अनुचित कृतीविशी भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळ (बीसीसीआय)न पाकिस्तानी क्रिकेटपटू साहिबजादा फरहान आणि हरिस रौफ हांच्या आड अधिकृत रित्या कागाळ दाखल केल्या. गैरवर्तन केल्याबद्दल भारतीय पंगडान दोनूय खेळगड्यांचेर कठोरकारवाय करपाची मागणी केल्या. ही कागाळ आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट काउन्सिल (आयसीसी) आनी मॅच रेफ्री अँडी पायक्रोफ्ट हांचे कडेन केल्या.